Rajashri Kamat  pradeshik khabro 09.12.2025 @ 7.25 am

रश्मी  १५५

दक्षीण आशियातलो सगळ्यात फामाद  सेरेंण्डीपीटी महोत्सव अंदु गोंयात 12 ते 21 डिसेंबर ह्य काळात जातलो. ह्या कार्यावळीचे आयोजन मांडवी न्हंयच्या काठार तशेंच  पणजेच्या वेगेवळ्या वाठारात जातले. ह्या महोत्सवात  कला, तशेंच  सामाजिक  सर्जनशिलतायेची वेगवेगळी तांसा लोका मुखार दवरतले. सेरेंण्डीपीटी महोत्सवत  संसारभरातले कलाकार वाटेकार जातात. अंदु ह्या महोत्सवाचे धावे वर्स आशिल्लयान सेरेण्डीपीटीची 10 वे वर्स ह्या  संक्लपनेचेर संसारीक पावंड्यावेले वेगवेगळे कलाकार आपली कलाकृती सादर करतले. ओल्ड जी.एम.सी वाठारात एक्सेस विलेज हो खाशेलो विभाग  सेरेंण्डीपीटीत अंदु पळोवपाक मेळटलो. पेपर  टू स्कल्पप्चर, पक्षी निरीक्षण सत्राचेय ह्या महोत्सवात  आयोजन केला. सायलंण्ट रिदम्स ह्या मुक कलाकार गटाचे कार्यावळीचे सादरीकरण ह्यावेळार जातले.तशेंच दिव्यांग व्यक्तीक  उर्बा दिवपी therefore I am हि खाशेली  कार्यावळ आसतली. हे शिवाय पोयम्स ओन द मुव्ह, डियर नोर्मल, सावंड ऑफ सायलेन्स, सेन्सरी स्टोरी टेलिंग, पंचतंत्र स्टोरीज,सिनेमा फोर  एवरी सेन्स, पीलाटेज फ्लो सादरीकरण ह्या सारख्या कार्यावळीचो ह्या महोत्सवात  सहभाग आसा.

८०

हडफड्यां हांगा रोमियो  लेन हांगाच्या बर्च  नाईट  क्लबात  घडिल्ल्या उजाच्या  घडणूकेची चवकशी  करपा  खातीर   सरकारान दंडाधिकारी चवकशी समिती  स्थापन  केल्या. उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी आनी जिल्हा दंडाधिकारी अंकित यादव,  हांच्या अध्यक्षते खाला स्थापन केल्ल्या समितीत  दक्षीण गोंयचे एसपी टिकम सिंग वर्मा,   फॉरेन्सिक सायन्सेस संचालनालयाचे संचालक आशुतोष आपटे, अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे उपसंचालक राजेंद्र हळदणकर हांचो आस्पाव आसा.ही समिती घडणूकेक कारणीभूत थारिल्ली कारणां, कायदेशीर  परवान्यांची तपासणी, प्रतिबंधात्मक उपाय,  मालक आनी हेर संबंदीत यंत्रणेची जापसालदारकी आनी हेर गजालींचे परिक्षण करून आपलो अहवाल दितली. मजगती राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान गोंयांतल्या सगळ्या नाईट क्लब, रेस्टॉरंट, बार, इव्हेंट स्थळ आनी तत्सम आस्थापनांक सात दिसां भितर अंतर्गत सुरक्षेचें ऑडिट करपाक सांगला तशेच जिल्लो अधिकारी, उजो पालोवपी दळ अधिकृत पंगडांक  तपासणे खातीर अहवाल तयार दवरपाचो निर्देश दिला.

पाळो दिवंक ना जाल्यार परवाने बंद, स्थगीत वा रद्द करप आनी आपत्ती वेवस्थापन कायदो, 2005 आनी हेर लागू आशिल्ल्या कायद्याच्या कलम 51 (ब) खाला खटलो चलोवपाची शिटकावणी दिल्या. तशेंच उजो, वीज, संरचनात्मक आनी आपत्कालीन सुरक्षेच्या नेमांक खरपणान पाळो दिवपाचे निर्देश आस्थापनांक दिल्यात

प्रेस नोट 80

भारतीय वेंचणूक आयोग, नवी दिल्लीन खाशेल्या सघन पुनर निरीक्षण विशी गोंय राज्या खातीर १ जानेवारी २०२६ क दिसा जावपी वेंचणूक वळेरी निरिक्षक म्हणून संदीप जाकीस महसूल सचीव हांची नियुक्ती केल्या

१८ दिसेम्ब्राक दन्पारा ३.३० क सामान्य जनतेक त्यांचे प्रतिनिधित्व प्राप्त करपाक खोली क्रमांक ४०७, सेमिनार हॉल, मातान्ही साल्दान्हा प्रशासकीय संकुल, चौथो माळो फातोर्डा हांगा रोल ऑब्झर्व्हर उपलब्ध आसतले. तशेच लोकानी लँडलाइन क्रमांक २४१९४२०, २४१९६४६ हाचे र संपर्क साधू येता वा चेंबर क्रमांक 205, तिसरो माळो, सचिवालय, परवरी, हान्गाय संपर्क करूं येता..

११५

मुखेल वेचणूक आयोगान चालिक लायील्ल्या SIR मोहिमेक गोय राज्यातले मतदार बरो प्रतिसाद दीत आसा .मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान जाहीर केले प्रमाण आता मरेन जी गणना फॉर्म सादर केल्यात जे वट ११ लाख ८५, हजार ३१४ तदारांपैकी ९८.३३% आसात आजून मेरेन ज्या मतदारांनी आपले गणना फॉर्म सादर करूंक ना तानी ते बेगीनात बेगीन मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सादर करची अशे कार्यालयान मागला . फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११ डिसेंबर मेरेन वाड्यल्या. मतदार त्यांचे गणना फॉर्म voters.eci.gov.in या पोर्टलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात. हे विशी गोवा विद्यापीठाचे कौशल शिरगावकर हाणी आपलो दृष्टिकोन मांडलो तशेच सहभाग आणि जागरूकतेचे महत्त्व अधोरेखित केले.

खेळ ४५

एफसी गोवा पंगडन तिसरे खेपे AIFF सुपर कपफुटबॉल सर्तीचे वस्तदपण जिखले , फातोर्डा स्टेडियमांत जाले खेळात एफसी गोवा पंगडन पेनल्टी शूटआउटांत ईस्ट बंगाल पंगडाचर 6आड 5 अशे जैत जोडले .

हवामान३५

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३3 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान २१.६  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें उरपा सयत सकाळच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला